*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**<u>हॉटेल/घरमालकांनी आपल्या कडेन येवपी गिरायकांक, भाडेकारांक वळखपत्र दाखोवपाची सक्ती करपाचो आदेश</u>**

ता. 14 ऑक्टोबर 2019

दक्षीण गोंय जिल्लोधिकाऱ्यान एका आदेशावरवीं दक्षीण गोंय वाठारांतल्या सगळ्यां हॉटेलांचे मालक/वेवस्थापन, लॉजिंग-बोर्डिंग, खाजगी गॅस्ट हाऊसीस, पेईंग गेस्ट हाऊसीस, निवासाची वेवस्था करपी घरमालक आनी धार्मिक संस्थांनी आपल्या कडेन येवपी गिरायकांची वळख पटोवपा खातीर गिरायकाकडेन मतदार कार्ड, वाहन चलोवपाचो परवानो, स्मार्ट कार्ड, आधार कार्ड, पासपोर्ट ह्या सारख्या वळखपत्राची मागणी करपाक सागला. वळख पटयल्या बगर गिरायकांक आपल्या हॉटेलात वा घरांत रावपाक दिवचे न्हय.

तशेंच भाडेकारांची म्हायती लागीच्या पुलीस स्टेशनार दिवपाची गरज आसा. मालकांनी आपली गिरायकां आनी भाडेकारांची म्हायती सांबाळून दवरची आनी गरज आसता तेन्ना अशी म्हायती पुलीस यंत्रणेक उपलब्ध करची. हो आदेश 02 ऑक्टोबर 2019 सावन लागू जाला आनी मदी फाटी घेतलो ना जाल्यार 60 दीस मेरेन लागू उरतलो.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/700

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA